## आरटीआय पोर्टल चलना म्हणपाची बातमी चुकीची

ता. 21 जानेवारी 2026

म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्यावतीन अंमलबजावणी करपात येवपी ऑनलायन आरटीआय वेबसायट पोर्टल चलना आनी खात्याक हे विशीं जाणीव ना म्हणपाची कांय खबरांपत्रांनी उजवाडाक आयिल्ली बातमी चुकीची आसा, असो खुलासो खात्यावतीन केला.

खात्यान आपल्या खुलाशात म्हणला, की (rtionline.goa.gov.in) हो ऑनलायन आरटीआय पोर्टल बरे तरेन चालू आसा. हो पोर्टल एनआयसी न तयार केला आनी ते देखरेख करतात. आरटीआय अर्ज आनी अपील करपाक तशेंच फी फारीक करपाक सोंपेपण जावचे म्हूण सरकारान ऑनलायन आरटीआय वेबसायट सुरू केल्ली. म्हायती हक्क कायद्यात पारदर्शकता आनी तत्परता हाडपाक ऑनलायन आरटीआय पोर्टलाची मजत जाल्या. पोर्टल सुरू जायत सावन 2634 आरटीआय अर्ज, 424 पयली अपील आनी 34 दुसरी अपील पोर्टलाचेर दाखल जाल्या. चालू म्हयन्यात 20 जानेवारी 2026 मेरेन 179 ऑनलायन आरटीआय अर्ज आनी 20 पयली अपील दाखल जाल्यात. ते खातीर कांय खबरांपत्रांनी उजवाडाक आयिल्ली बातमी चुकीची आनी दिशाभूल करपी आसा. ऑनलायन आरटीआय अर्ज दाखल करपाक कसलीय समस्या येता आसत जाल्यार मजती खातीर खात्याकडेन संपर्क करचो, अशें खुलाशात म्हणला.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/61

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.